**मडगांवा क्रांती दीस पाळ्ळो**

ता. 18 जून 2021

मडगांवच्या इतिहासीक लोहिया मैदानाचेर आयज जाल्ल्या गोंय क्रांती दीस कार्यक्रमात उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर हांणी हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र ओपून गोंय मुक्ती चळवळीतल्या हुतात्म्यांक आर्गां ओपली.

श्री. कवळेकर हांणी स्वातंत्र्य सैनिक डॉ. राम मनोहर लोहिया हांच्या पुतळ्याकय पुष्पांजली ओपली. हुतात्मे आनी स्वातंत्र्य सैनिकांनी गोंय मुक्ती चळवळीखातीर केल्ल्या त्यागाचो उगडास करपा खातीर प्रत्येक वर्सा 18 जूनाक गोंय क्रांती दीस पाळटात.

विरोधी नेते श्री. दिगंबर कामत, आमदार श्री. विजय सरदेसाय, श्री. चर्चिल आलेमांव, श्री. आलेक्स रेजिनाल्ड, श्री. क्लाफासियो डायस, जिल्हा पंचायत वागडी श्री. उल्हास तुयेंकर, मडगांवचे नगराध्यक्ष श्री. लिंडन परेरा, उपनगराध्यक्ष श्रीमती दिपाली सावळ, , जिल्हाधिकारी श्रीमती रूचीका कट्याळ, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री. सुरेंद्र नाईक, पुलीस अधिक्षक श्री. पंकज कुमार सिंग, स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष श्री. अविनाश शिरोडकर, स्वातंत्र्य सैनिक श्री. गोपाळ चितारी, श्री. वामन प्रभूगांवकर आनी हेर ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/542

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji